**भलायकी सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय दोतोर दीस मनयलो**

ता. 1 जुलय 2022

नामनेचें दोतोर, स्वातंत्र्य सैनिक आनी राजकारणी सर्गेस्त डॉ. बी. सी. रॉय हांच्या जयंतीनिमतान भलायकी सेवा संचालनालयान आयज राष्ट्रीय दोतोर दीस मनयलो. भलायकी सचीव श्री. वाय. व्ही. व्ही. जे. राजशेखर कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आशिल्लें. भलायकी सेवा संचालक डॉ. गीता काकोडकर, आदले संचालक डॉ. जुजे डिसा, सांखळी भलायकी केंद्राचे भलायकी अधिकारी डॉ. उत्तम देसाय, वरिश्ट पॅथोलॉजिस्ट डॉ. वर्षा मुंज आनी हेर दोतोर आनी अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

कार्यक्रमात उलयताना भलायकी सचीव श्री. वाय. व्ही. व्ही. जे. राजशेखर हांणी भौशीक भलायकी सेवा मळार खास करून म्हामारीच्या काळांत दोतोरांची भुमीका म्हात्वाची आशिल्ल्याचें सांगून दोतोरांच्या सेवेची तोखणाय केली. दोतोरांखातीर ताण वेवस्थापन म्हत्वाचे आशिल्ल्याचेय तांणी म्हणलें.

सुरूवातीक भलायकी सेवा संचालक डॉ. गीता काकोडकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिवन भौशीक भलायकी सेवेतल्या दोतोरांच्या सेवेची तोखणाय केली आनी "वखदां दुयेंसाक बरें करता पुण दोतोर दुयेंतीक बरें करता" अशें सांगून लोकांक बरी भलायकी सेवा दिवपाखातीर दोतोरांकडल्यान सतत सहकार्य मेळटले, अशी आस्त उक्तायली.

ह्या वेळार डॉ. जुजे डिसा, डॉ. वर्षा मुंज, डॉ. दत्ता एच. भट, डॉ. उत्तम देसाय, डॉ. उत्कर्ष बेतोडकर हांचो सत्कार जालो.

त्याउपरांत वरिश्ट मनोवैज्ञानीक डॉ. राजेश धुमे हांचे "दोतोरांमदी ताण वेवस्थापन" ह्या विशयाचेर व्याख्यान जाले. दोतोरांनी ताण कसो कमी करप हे विशीं तांणी मार्गदर्शन केले.

डॉ. रूपा नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले. डॉ. आदिती बुडकुले हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/442

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji